Panaji National 24th February 2026 8.40am

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान महाराष्ट्र, झारखंड आनी राजस्थानांच्या चार दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो.

वेंचणूक आयोग आयज नवी दिल्लींत  ईसीआय आनी राज्य वेंचणूक आयुक्तांची राष्ट्रीय गोलमेज परिशद घडोवन हाडटलो.

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल नवी दिल्लींत केंद्रीय मंत्रालयां आनी भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांच्या मालमत्ता मुद्रीकरणाच्या दुसऱ्या टप्प्याची सुरवात केली.

आयसीसी दादल्यांच्या  टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले सुपर 8च्या  गट-1 मॅचींत वेस्ट इंडीजान  झिंबाब्वेक  107 धांवड्यांनी हारयले.

Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान महाराष्ट्र, झारखंड आनी राजस्थानांच्या चार दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो. आज राष्ट्रपती मुंबयत लोकभवनांत पीडी हिंदुजा हॉस्पिटलान घडोवन हाडिल्ल्या "सेव्हिंग लाइव्हज अँड बिल्डिंग अ हेल्दीयर भारत" या देशव्यापी अभियानाचे उक्तावण करतल्यो. बुधवारा त्यो केंद्रीय आयुश मंत्रालयान बुल्डाना जिल्हयांतल्या शेगांवांत आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय भलायकी मेळावो 2026 त उपस्थित रावतल्यो. तशेंच नागपूरांत ब्रह्म कुमारी वरवीं आयोजीत केल्ल्या 'एकता आणि विश्वासाच्या माध्यमाtlyan महाराष्ट्राचो सुवर्णकाळ' ह्या राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळीक हाजीर रावपाच्यो आसात.

बिरेस्तारा राष्ट्रपती जमशेदपूरात श्री जगन्नाथ आध्यात्मिक आणि सांस्कृतिक चॅरिटेबल सेंटर ट्रस्टान आयोजीत केल्ल्या श्री जगन्नाथ देवळाच्या भूमिपूजन सुवाळ्यांत सहभागी जातल्यो. त्यो जमशेदपूरातल्या मणिपाल टाटा मेडिकल कॉलेजीक भेट दितली आनी विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतली.
राष्ट्रपती शुक्रारा राजस्थानांतल्या पोखराणांत वायुशक्ती सरावाक उपस्थित रावतल्यो.

**CEC**

वेंचणूक आयोग आयज नवी दिल्लींत भारत मंडपमात  ईसीआय आनी राज्य वेंचणूक आयुक्तांची राष्ट्रीय गोलमेज परिशद घडोवन हाडटलो. गोलमेज परिशद 27 वर्सां उपरांत जात. निमाणी परिशद 1999 वर्सा जाल्ली. गोलमेज परिशदेची येजमानकी मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार चलैतले. हे वेळार वेंचणूक आयुक्त डॉ सुखबीर सिंग संधू आनी डॉ विवेक जोशीय हाजीर आसतले. सगळ्या राज्यांचे आनी केंद्रशासित प्रदेशांचे राज्य वेंचणूक आयुक्त आपल्या कायदेशीर आनी तंत्रीक तज्ञां बरोबर हे परिशदेंत वांटो घेतले. ते भायर सगल्या राज्यांचे आनी केंद्रशासित प्रदेशांचे मुखेल वेंचणूक अधिकारीय हे परिशदेक हाजीर रावपाचे आसात.

**Prahar**

गृह मंत्रालयान देशाचे नवे राष्ट्रीय दहशतवाद विरोधी धोरण आणि रणनीती - प्रहारचे अनावरण केले. ही रणनीती दहशतवादाच्या वाढत्या धोक्याक तोंड दिवपाखातीर एक व्यापक व्यवस्था सादर करता.

**Fin**

भांगराच्या दराचेर सरकार बारकायेन नदर दवरन आसा अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलां. सणासुदीच्या काळात भांगराच्या दरांत वाड दिसून येता पूण सध्या मेरेन थारायिल्ली मर्यादा हुंपूंक ना अशें तांणी सांगलें. सीतारामन हाणी ही माहिती काल नवी दिल्लीत रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाच्या केंद्रीय संचालक मंडळा बरोबरच्या पारंपरिक पोस्ट-बजेट बसके उपरांत पत्रकार परिषदेत दिली. भांगराची मागणी वाडल्या पूण ती हुस्को करपा सारख्या पांवड्यार पावूंक ना आनी दर सर्किट मर्यादे भितर उरल्यात अशें अर्थमंत्री सीतारामन हांणी सांगलें.

**FM Monetisation**

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल नवी दिल्लींत केंद्रीय मंत्रालयां आनी भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांच्या मालमत्ता मुद्रीकरणाच्या दुसऱ्या टप्प्याची सुरवात केली. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 त जाहीर केल्ल्या ‘मालमत्ता मुद्रीकरण येवजण 2025-30’ च्या

अनुषंगाने , मुळाव्या साधनसुविधा क्षेत्रातल्या मंत्रालयां कडेन सल्लामसलत करून, निती आयोगान येवजणेचो दुसरो टप्पो विकसित केला.

एनएमपी 2.0 अंतर्गत आर्थिक वर्ष 2025-26 ते वित्तीय वर्स 2029-30 या पाच वर्षांच्या काळांत एकूण 16.72 लाख कोटी रुपयांच्या मुद्रीकरणाची क्षमता अनुमानित केल्या. हातूंत केंद्रीय मंत्रालया आणि सार्वजनिक क्षेत्रातल्या उपक्रमांच्या मालमत्ता मुद्रीकरण पाइपलाइनअंतर्गत 5.8 लाख कोटींच्या खासगी क्षेत्रातल्या गुंतवणुकीचो आस्पाव आसा.

IBM

आयबीएम भारतभर quantum computing आनी cloud infrastructure हातूंत गुंतवणूक करपाची येवजण आंखता अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत वैष्णव हांणी सांगलें की आयबीएम देशांतल्या आपल्या डिझायन पंगडांक आनीक घटमुट करता, खास करून प्रगत semiconductor नोड्सांत. ह्या यत्नांक लागून राष्ट्राच्या तरणाट्याक चड संदि मेळटल्यो अशें तांणी सांगलें.

Goyal UK

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल नवी दिल्लींत युके इंडिया बिझनेस काउन्सिलाचे अध्यक्ष रिचर्ड हील्ड आनी salmon स्कॉटलंडाचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी तवीश स्कॉट हांची भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत गोयलान सांगलें, तांच्या बसके वेळार भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार कराराच्या अंमलबजावणीक लागून उक्ते जावपी नव्या मार्गांचेर तांणी चर्चा केली

SC Delhi

दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो सुदारपा खातीर कोळसो आदारीत सगले उद्देग वाठारा भायर व्हरपाच्या प्रस्तावाचेर काल सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकाराच्या मंत्रालयां कडल्यान जाप मागल्या. राष्ट्रीय राजधानी वाठारांतल्या वायू प्रदुशणाच्या

खर संकश्टाचेर उपाय काडपा खातीर मुखेल न्यायाधीश सूर्यकांत आनी न्यायाधीश जॉयमल्या बागची आनी विपुल एम. पंचोली हांच्या खंडपीठाने हे निर्देश दिले.

**Bharat taxi**

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी नवी दिल्लींतल्या भारत टॅक्सीच्या सारर्थीं कडेन संवाद सादलो. काल जारी केल्ल्या व्हिडियोंत शाहा हाणी सांगलें,

**NHDC**

2031 मेरेन 10 अब्ज डॉलर्सची हातमाग निर्यात करपाचो सरकाराचो हेत आसा अशे केंद्रीय वस्त्रोद्योग मंत्री गिरीराज सिंह हाणी सांगलें.नवी दिल्लींत राष्ट्रीय हँडलूम डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशनाच्या (एनएचडीसी) 43व्या स्थापणूक दिसा उलयतना सिंग हांणी उपजीविका तिगोवन दवरपाक आनी देशी उत्पादन वेवस्थेक चालना दिवपाक हातमाग क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका अधोरेखित केली.

**WB SIR**

सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशा प्रमाण राज्यांतल्या खाशेल्या सघन पुनरावलोकन प्रक्रिये खातीर नेमिल्ल्या न्यायीक अधिकाऱ्यांचें वा न्यायाधीशांचें प्रशिक्षण पुराय जालां अशें अस्तंत बंगालचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी मनोज कुमार अग्रवाल हांणी सांगलें. न्यायीक अधिकारी आतां आपलें काम सुरू करपाक तयार आसात अशें अग्रवाल हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. एसआयआर प्रक्रियेक लागून जावपी गुंतागुंती सोडोवपा खातीर वेंचणूक आयोग आनी न्यायवेवस्थेचे प्रतिनिधी हांची काल परतून बसका जाली.

**Maha**

काल मराठवाड्यातल्या जायत्या वाठारांनी अवकाळी पावस पडून  पिकांक लुकसाण जावपाचो हुस्को निर्माण जाला. लातूर जिल्ह्यांत अहमदपूर, निलंगा, औसा आनी उद्गीर तालुक्यांत पावस पडिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. हवामान खात्यान फुडल्या कांय दिसांत आनीक पावस पडपाची शक्यता उक्तायल्ल्यान जिल्लो अधिकाऱ्यांनी शेतकऱ्यांक गरजेची जतनाय घेवपाचें आवाहन केलां. पालकमंत्री शिवेंद्रसिंहराजे भोसले

हांणी बाधित वाठारांचो बेगो बेग पंचनामा करपाचे निर्देश अधिकाऱ्यांक दिल्यात.मजगतीं, मध्य महाराष्ट्रांतल्या कांय वाठारांनी उण्यांत उणें तापमान वाडलां.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयएमडीन आज ओडिशा आनी झारखंडां संयत Andaman आनी Nicobar जुंव्यांचेर कांय वाठारांनी हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

ICC

आयसीसी दादल्यांच्या  टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ले सुपर 8च्या  गट-1 मॅचींत वेस्ट इंडीजान  झिंबाब्वेक  107 धांवड्यांनी हारयले. वेस्ट इंडीजान दिल्ल्या 255 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फ़ाटलाव करतना झिंबाब्वेन 17.4 ओव्हरींनी फक्त 147 धांवड्यो केल्यो. पयली फलंदबाजी करून वेस्ट इंडीजान 20 ओव्हरींनी 6 विकेटी वगडावन 254 धांवड्यो केल्यो. ताचे आदीं झिंबाब्वेन टॉस जिखून गोलंदाजी करपाचो पर्याय घेतलो.  आयज ह्या सर्तीत सुपर 8त  गट 2 मॅचींत इंग्लंड, पाकिस्ताना आड खेळटलो. हो खेळ श्रीलंकेत पल्लेकेले आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत थळाव्या वेळा प्रमाण सांजवेळा 7:00 वरांचेर सुरू जातलो.